Panaji National 24th September 2025 8.40am

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी काल 2023 वर्सा खातीरचे राष्ट्रीय चित्रपट पुरस्कार भेटयले.

रेल्वे येता त्या सणा सुदिच्या काळात बारा हजार खाशेल्यो गाडयो चलयतली.

महाराष्ट्राचे मुख्यमंत्री देवेंद्र फडणवीस राज्यांतल्या हुंवार पिडीत वाठारांक भेट दितले. अस्तंत बंगालांत रातभर पडिल्ल्या पावसाक लागून मरण आयिल्ल्यांचो आंकडो धा चेर पावला.

हवामान खात्यान आयज ओडिशा आनी छत्तीसगडांत दाट उटनगराचो अदमास उक्तायला.

दादल्यांच्या टी-20 आशिया कपांत आयज सांजवेळा दुबयत सुपर 4 स्टेज मॅचीत भारत बांगलादेशा आड खेळतलो.

Film awards – 110
राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी काल नवी दिल्लींत एका कार्यावळींत 2023 वर्सा खातीरचे 71वे राष्ट्रीय चित्रपट पुरस्कार भेटयले. ह्या वेळार नामनेचो मलयाळम अभिनेतो, दिग्दर्शक, आनी निर्मातो मोहनलाल हाका सिनेमाच्या मळार सर्वोच्च मानाचो दादासाहेब फाल्के पुरस्कार भेटयलो. बेस्ट फिचर फिल्म पुरस्कार '12th Fail,' हाका, जाल्यार बेस्ट हिंदी फिचर फिल्म पुरस्कार 'Kathal: A Jackfruit Mystery हांकां फावो जालो. अभिनेतो शाहरुख खानाक ताच्या जवान फिल्मा खातीर जाल्यार अभिनेतो विक्रांत मॅसीकी 12व्या फेल खातीर बेस्ट एक्टर पुरस्कार फावो जालो. Mrs. Chatterjee vs. Norway ह्या सिनेमांतल्या अभिनया खातीर राणी मुकेर्जीक उत्कृश्ट अभिनेत्री पुरस्कार फावो जालो. पुरस्कार भेटयल्या उपरांत उपस्थितांक उद्देशून उलोवप करतना, राष्ट्रपती मुर्मू मुर्मू हांणी बायलां केंद्रीत चित्रपटांच्या निर्मितीचेर आनी तांकां मेळपी पुरस्कारांचेर खोशी उक्तायली.

Railway – 60
प्रवाशांच्या सोयी खातीर दिवाळी आनी छठ सणाच्या वेळार 12 हजार खासा रेल्वे चलयतले अशें रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी जाहीर केलां. काल नवी दिल्लींत पत्रकार परिशदेंत उलयतना वैष्णव हांणी सांगलें, ह्यो खाशेल्यो गाडयो 1 ऑक्टोबर

ते 15 नोव्हेंबर ह्या काळांत धावतल्यो. फाटल्या वर्सा दिवाळी आनी छठ सणाच्या वेळार 7,750 खाशेल्यो गाडयो चलयलल्यो अशें तांणी नदरेक हाडलें.
Byte –
Amit Shah – 50
गृहमंत्री अमित शाह हाणी स्टार्टअपस हें नव्या भारताचो कणो अशें म्हळां. गांधीनगरांतल्या महात्मा मंदिरांत काल दोन दिसांच्या स्टार्ट अप कॉन्क्लेवाचें उक्तावण करतना शाह हाणी सांगलें, फाटल्या दशकांत भारताच्या स्टार्टअप इकोसिस्टमांत अभूतपूर्व वाड जाल्या. भारताच्या युवा शक्तीचेर भर दित, शाह हाणी विश्वास उक्तायलो की देश तीन वरसात जागतिक नवाचार निर्देशांकात पयल्या धात प्रवेश करतलो.
Byte –
Rajnath – 90
संरक्षण मंत्री राजना सिंग आनी मोरोक्कोचे संरक्षण मंत्री अब्दुल लतीफ लौदीई हांणी काल मोरोक्कोच्या बेरशीद शारांत टाटा ॲडव्हान्सड सिस्टम्स लिमिटेड (टीएएसएल) कंपनीन स्थापन केल्या भारतांतल्या पयल्या परदेशांतल्या संरक्षण उत्पादन सुविधेचें संयुक्तपणान उक्तावण केलें. हे उक्तावण भारत आनी मोरोक्को हांचे मदल्या विकसीत जावपी धोरणात्मक भागीदारींतलो एक इतिहासीक खीण अशें राजना सिंग हाणी म्हळें. हे सुविधेंतल्यान TASL आणि संरक्षण संशोधन आणि विकास संघटनेन संयुक्तपनाण डिझाइन केलले स्वदेशी विकसित व्हील्ड आर्मर्ड प्लॅटफॉर्मचे उत्पादन जातले अशें तांणी सांगलें.
ह्या कंत्राटा खाला TASL हि वाहनां रॉयल मोरोक्को आर्मीक deliver करतले. फुडल्या म्हयन्यांत डिलिव्हरी सुरू जातली.
आयुर्वेद 80
अखिल भारतीय आयुर्वेद संस्थानान काल त्यांच्या धारगल कॅम्पसात १० वो राष्ट्रीय आयुर्वेद दिस मनयलो. गोयचे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू या कार्यक्रमाचे अध्यक्षस्थानार आसले . केंद्रीय आयुष आणि भलायकी राज्यमंत्री प्रतापराव जाधव, गोयचे मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत आणि केंद्रीय वीज आणि नवीन आणि अक्षय ऊर्जा राज्यमंत्री श्रीपाद नाईक उपस्थित आशिले. या वेळार उलयताना, प्रतापराव जाधव यांनी आयुर्वेद शिक्षणा खातीर जागतिक दर्जाची संस्था स्थापन करपाक भारत सरकारन केल्या प्रयत्नांचे कौतुक केले. Byte जाधव
हे वेलार अक्षय ऊर्जा राज्यमंत्री श्रीपाद नाईक हाणी सांगले byte
Shivraj virtual – 90

शेतकी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी काल उत्तर प्रदेश आनी गुजरातांतल्या मुखेल दाळी आनी तेलबियांची खरेदी करपाक मान्यताय दिल्या. उउच्चस्तरीय व्हर्च्युअल बसकेची येजमानकी चलयतना चौहान हांणी पुराय खरेदी प्रक्रिया पारदर्शक, डिजिटल आनी शेतकार केंद्रीत आसपाक जाय हाजेर भर दिलो. ह्या उपक्रमांतल्यान फकत खऱ्या शेतकारांकच फायदो जावचो हाजेर तांणी भर दिलो आनी मध्यस्थांकडल्यान जावपी शोशण आडावपाचे निर्देश राज्यांक दिले. शेतकी मंत्रालयाच्या म्हणण्या प्रमाण ही पुराय खरेदी प्रक्रिया ई-समृध्दी आनी ई-संयुक्ती पोर्टला वरवीं डिजिटल रितीन जातली, जाका लागून शेतकारांच्या बँक खात्यांत □ट फारीकणी करपाक मेळटली.

BJP GST – 60

फुडले पिळगेंतल्या जीएसटी सुदारणांक लागून माल आनी वखदां सयत वेगवेगळ्या वस्तूंचे दर उणे जाल्ल्यान देशांतल्या लोकांक बरीच □ाकाय मेळ्ळ्या अशें भारतीय जनता पक्षान काल सांगलें. नवी दिल्लींत काल प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना भाजपा प्रवक्ते संबीत पात्रा हांणी प्रसार माध्यमांच्या वृत्तांचो आनी एनडीएचे फुडारी आनी मंत्र्यांक बाजार भेटी वेळार मेळिल्ल्या प्रतिसादाचो उल्लेख करून दर कपातीक लागून लोक खोशी आसात अशें सांगलें.

World food india – 80

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी बिरेस्तारा नवी दिल्लीत भारत मंडपमात चार दिसांच्या वर्ल्ड फूड इंडियाचें उक्तावण करतले. वेग वेगळ्या अन्न प्रक्रिया क्षेत्रांत गुंतवणूक वाडोवप, तशेंच भारताची गिरेस्त अन्न संस्कृताय संवसारांत वळख करून दिवप हो वर्ल्ड फूड इंडियाच्या चौथ्या आवृत्तीचो हेतू आसा.

Nadi Mahotsav – 60

सांस्कृतिक मंत्रालयाच्या अंतर्गत इंदिरा गांधी राष्ट्रीय कला केंद्र ह्या म्हयन्याच्या 25 तारखे सावन नवी दिल्लींत नदी महोत्सवाची सवी आवृत्ती घडोवन हाडटली. तीन दिसांच्या कार्यावळीचें उक्तावण केंद्रीय जल शक्ति मंत्री सी.आर. पाटील करतले. ह्या कार्यावळींत तज्ञ आनी सर्जनशील कलाकार एकठांय येवन न्हंयो आनी समाजीक उपजीविका मदल्या संबंदाचेर विचार करतले. ह्या कार्यावळींत राष्ट्रीय परिसंवाद, माहितीपट महोत्सव, कार्यशाळा, प्रदर्शनां आनी सांस्कृतीक सादरीकरणां आसतलीं.

Mah rain – 60

महाराष्ट्राचे मुख्यमंत्री देवेंद्र फडणवीस राज्यांतल्या हुंवार पिडीत वाठारांनी भेट दिवन मदत आनी बचाव उपायांचे नियाळ घेतले. घोग्यांनी पावस आनी लोअर तेर्ना प्रकल्पांतल्यान उदक सोडिल्ल्यान तेरना न्हंयेक हुंवार आयिल्ल्यान लातूर जिल्ह्यांतल्या औसा तालुक्यांतल्या एका गांवाक बरोच मार बसला. कितलींशींच घरां

बुडयल्यांत आनी जतनायेचो उपाय म्हूण  नागरिकांक सुरक्षीत सुवातेर हालयल्यात. हुंवाराच्या उदकाक लागून लातूर-सोलापूर राष्ट्रीय म्हामार्गूय अंशतः बंद आशिल्लो.

Kolkata Rains – 30

अस्तंत बंगालांत रातभर पडिल्ल्या पावसाक लागून मरण आयिल्ल्यांचो आंकडो धा चेर पावला आनी राजधानी कोलकाता शाराचेर खर परिणाम जाला.  रातच्या वेळार अस्तंत बंगालाच्या कांय वाठारांनी घोग्यांनी पावस पडून सामान्य जण जिण विस्कळीत जाला.

IMD – 50

हवामान खात्यान आयज ओडिशा आनी छत्तीसगडांत उटनगराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. ईशान्य भारतांतल्या आसाम, मेघालय, नागालँड, मणिपूर, मिजोरम आनी त्रिपुरा ह्या वाठारांनीय आयज मुसळधार पावस पडपाची शक्यताय आसा. तशेंच बिहार, आंध्र प्रदेशाची दर्यादेग, उदेंत मध्य प्रदेश, अस्तंत बंगाल, झारखंड, तेलंगणा आनी विदर्भांत हिच  स्थितींत उरपाची अदमास आसा.

Cricket – 30

दादल्यांच्या टी-20 आशिया कपांत आयज सांजवेळा दुबय आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट स्टेडियमाचेर सुपर 4 स्टेज मॅचीत  भारत आनी बांगलादेश हांचे मदीं खेळ  जातलो. मॅच रातच्या 8 वरांचेर सुरू जातली. आयचो जैतिवंन्त फायनलींत सुवात निश्चित करत